*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**पणजे शारांत शेनवारा नरकासूर सर्तीं निमतान एकमार्गी येरादारी**

ता. 24 ऑक्टोबर 2019

पणजे शारांत शेनवार ता. 26 ऑक्टोबर 2019 दिसा भाटले, मधुबन इमारत, काकुलो मॉल, बाशिकाच्या घराकडले जक्शन आनी हेर रस्त्यांचेर नरकासूर सर्ती जावपाच्यो आसात आनी ह्या सर्तींच्या वेळार रस्त्यांचेर येरादारीची गर्दी जावची न्हय म्हुण त्या दिसा सांजेच्या 7.00 वरासावन ते सर्तीं सोपमेरेन आल्तिनो ते भाटले, भाटले ते मधुबन इमारत, मधुबन इमारत ते काकुलो मॉल, काकुलो मॉल ते बाशिकाच्या घराकडले जक्शन, सेंट फ्रांसिस चॅपेल ते मारूती देऊळ मळा आनी सेंट फ्रांसिस चॅपेल ते सती देवस्थान ह्या मार्गांचेर येरादारी एकमार्गी करतले.

लोकांनी ह्या बदलाची नोंद घेवन येरादारीची गर्दी टाळपा खातीर येरादारी पुलीसांक सहकार्य करचे, अशी विनंती येरादारी पुलीस विभागान केल्या.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/732

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA